## तिरुवनंतपुरमांत 'गोवा@60 रोड शो' क बरो प्रतिसाद

ता. 8 ऑक्टोबर 2022

गोंयच्या पर्यटन उद्देगाक प्रोत्साहन दिवप, गोंयांन साबार मळार केल्ल्या प्रगतीचे आनी विकासाचे प्रदर्शन करप आनी मानवी प्रयत्नांच्या मळार गोंयांक अदीक उंचायेर व्हरपाच्या उद्देशान माहिती आनी प्रसिद्धी खात्यान गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाच्या जोड पालवान तिरुअनंतपुरम ह्या केरळातल्या देवभुमीत आयोजीत 'Goa@60 रोड शो' क काल भव्य सुरुवात जाली.

तिरुवनंतपुरमचे जिल्हाधिकारी श्री जेरोमिक जॉर्ज, आयएएस हांचे हस्तुकीं रोड शो चे उक्तावण जाले. उक्तावणाच्या कार्यक्रमाक माहिती आनी प्रसिद्धी खात्याचे जोड संचालक श्री पांडुरंग तळगांवकर, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे सिनियर मार्केटींग वेवस्थापक श्री विशेष नाईक आनी माहिती आनी प्रसिद्धी खात्याचे माहिती सहाय्यक श्री सिद्धेश सामंत उपस्थित आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयताना जिल्हाधिकारी श्री जेरोमिक जॉर्ज हांणी केरळ राज्यांत आयोजीत गोंय सरकाराच्या रोड शो क येवकार दिलो आनी गोवा@60 रोड शो कार्यक्रमाचे उक्तावण करपाक मेळटा हे आपले भाग्य आशिल्ल्यासे सांगून रोड शो क शुपरबीं दिली आनी यश उक्तायले. ह्या रोड शो वरवीं केरळातल्या लोकांक सोबीत गोंयचे दर्शन घडटले आनी गोंयांक भेट दिवपाक तांका उमेद जातली. केरळातल्या लोकांक गोंयच्या संस्कृतीचो प्रत्यक्ष अणभव घेवपाची ही बरी संद आशिल्ल्याचेय तांणी म्हणलें

ह्या वेळार उलयताना श्री पांडुरंग तळगांवकर हांणी म्हणलें, गोंय आपल्या मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता आनी त्या निमतान राज्य सरकारान साबार कार्यक्रमांचे आयोजन केले. ह्या कार्यक्रमांचो एक भाग म्हूण देशाच्या विंगड विंगड शारांत गोवा@60 ह्या संकल्पनेचेर रोड शो चे आयोजन केले. अशां रोड शो च्या माध्यमातल्यान राज्यांन साबार मळार केल्ली दोळे दिपकावपी प्रगती आनी गोंयच्या संस्कृतीचे दर्शन घडोवपात येता, अशें तांणी सांगलें.

श्री विशेष नाईक हांणी सुरवातीक येवकाराचे उलवप केले. जाल्यार श्री. सिद्धेश सामंत हांणी निमाणे उपकार मानले.

आता मेरेन देशातल्या अहमदाबाद, उदयपूर, राजस्थान, वाराणसी, मदुराय ह्या शारांनी रोड शो जाल्यात आनी ह्या तिरुअनंतपुरमच्या रोड शो उपरांत कर्नाटकातल्या म्हैसूर शारांत रोड शो जातलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/622

-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji